# सरकारी कर्मचा-यांनी आपल्या कर्तव्याकडेन प्रामाणिक रावपाक जाय-श्री. पिळर्णकर

ता. 20 डिसेंबर 2018
29 मार्गशीर्ष 1940

सरकारी कर्मचा-यांनी आपल्या कर्तव्याकडेन प्रामाणिक रावन नेम आनी कायद्याप्रमाण लोकांची सेवा करपाक जाय अशें म्हायती आनी प्रसिध्दी खात्याचे संचालक श्री. गुरूदास पिळर्णकर हांणी आयज मडगांवा माथानी साल्डाणा जिल्होधिकारी प्रकल्पात म्हायती आनी प्रसिध्दी खात्यान म्हायती हक्क कायद्याचेर आयोजित केल्ल्या कार्यशाळेचे उक्तावण केले उपरांत उलयताना सांगले.

म्हायती कायद्यातल्या तजवीजीप्रमाण नागरीक आपल्याक जाय आशिल्ली म्हायती मेळोवपाक शकता. सरकारी प्रशासनातलो भ्रश्टाचार थांबोवन लोकांक पारदर्शक आनी तत्पर सेवा दिवपाक म्हायती हक्क कायदो म्हत्वाचो आसा. प्रत्येक अधिका-यान आपल्या कामाची म्हायती संकेतथळार उपलब्ध करपाक जाय, अशेंय श्री. पिळर्णकर हांणी म्हणले.

पालवी संचालक ऋखझअठऊ श्रीमती सीमा फर्नांडिस आनी गोवा कॅन चे निमंत्रक श्री. रोलांड मार्टिन कार्यशाळेचे मार्गदर्शक आशिल्ले. कार्यशाळेत नगरपालिका, ग्रामपंचायत, गिरायक मंचाचे प्रतिनिधी आनी नागरीक सहभागी जाल्ले.

श्री.रोलांड मार्टिन हांणी लोकांमदी म्हायती अधिकार कायद्याविशी जागृती करपाची गरज व्यक्त करून संबंदीत अधिका-यानी अर्जदाराक गरजेची म्हायती वेळार दिवप आवश्यक आशिल्ल्याचे सांगले.

श्रीमती फर्नांडिस हांणी कार्यशाळेत सहभागी जाल्ल्या प्रतिनिधीक म्हायती हक्क कायद्यातल्या वेगवेगळया तरतुदीची म्हायती दिवन प्रशासनात पारदर्शकता हाडपाखातीर म्हायती हक्क कायदो म्हत्वाचो आशिल्ल्याचे सांगले.

म्हायती सहाय्यक श्री. श्याम गांवकर हांणी कार्यक्रमाचे सूत्रसंचालन केले आनी निमणे उपकार मानले.

मा/सप/जीपीपी/प्रना/विगां/सुसुका/2018/1835